Aakashvani Panaji Regional news 7.25 am 5th December 2025

SIR

गोंय मुखेल कार्यकारी अधिकारी पंगड  हांणी पणजे  नगरपालिका मार्केटाक भेट दिली.  जायत्या जाणांनी गणना फॉर्म भरपा विशीं आपले अणभव आनी एसआयआर 2026 विशीं आपलीं मतां सांगलीं.हो  जागृत आनी सहभागी मतदारांक चालना दिवपाचो यत्न आसा . Byte

Navy

काल  सांजवेळा वास्कोच्या आयएनएस गोमंतक हांगा नौदलाचो दीस व्हड उमेदीनं मनयलो. गोंय नौदल क्षेत्राचो ध्वज अधिकारी कमांडिंग आनी नौदल विमाननाचो ध्वज अधिकारी रियर एडमिरल अजय डी थियोफिलस हांणी आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत भारतीय नौदलाची गिरेस्त दर्यावेली परंपरा आनी कार्यकारी बळगें गोंयचे राज्यपाल पुसपाती अशोक गजपती राजू हांच्या हाजिरेंत मुखेल सोयरे आशिल्ले.हया कान्यक्रमांत एक कार्यकारी प्रदर्शन, नेव्ही चिल्ड्रन शाळेच्या विद्यार्थ्यांनी सांस्कृतीक सादरीकरण, बीटिंग रिट्रीट आनी सूर्यास्त सुवाळो आशिल्लो. भारतीय नौदलाचेर एक खाशेलो चित्रपटय दाखयलो, उपरांत उजवाड आनी फटाके.रियर एडमिरल अजय d थियोफिलसान आपल्या मार्गदर्शनात फाटल्या वर्सा नौदलाच्या कामगिरीचेर भर दिलो, तातूंत आयएनएस हंसा हांगा 11 हजारां वयर लश्करी उड्डाण, मुखेल व्यायामा वरवीं दर्यादेगेची सुरक्षा घटमूट करप, गोंयचे दर्यादेगेर येसस्वी सोडवणूक कार्यावळी हांचो आस्पाव आसा. तशेंच ताणें आऊटरीच उपक्रम, पर्यावरणीय ड्रायव्ह, आनी राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय मानेस्तांच्या भेटींचेर रेखांकन केलें.प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी अंदू गोंयच्या दर्यादेगेर भारतीय नौदला वांगडा दिवाळी मनयली.हया उत्सवांत नौदलाची कार्यकारी तयारी, समाजीक वावर आनी राश्ट्रीय सुरक्षा खातीर ताची वचनबद्धताय दिसून आयली.

Sir  90

वेचणूक आयोगान सांगला की विशेष सघन सुधारणा (SIR) चो दुसरो पावडो  सुरू झाल्या-सावन मतदारांमदी ५० कोटी सत्याणव   लाखांपरस चड गणना अर्ज वितरित केल्यात. या टप्प्यात समाविष्ट जावपी सुमार एकावन कोटी मतदारांपैकी नव्याणव  पूज्य  त्र्याय्शी टक्के मतदार आसात. आता मेरेन सुमार सत्तेचाळीस

कोटी अर्जांचे डिजिटलायझेशन केला. मतदार वळेरी SIR चो दुसरो पावंडो या महिन्याच्या ४ तारखे क नऊ राज्यां आणि तीन केंद्रशासित प्रदेशांमदी सुरू जाला.

Book राजेश 95

प्राची प्रकाशन वजरी साखळी हांचेवतीन नामनेचे कोकणी साहित्यिक आणि नाटककार प्रोफेसर डॉक्टर प्रकाश रमाकांत वजरीकर हांच्या तीन पुस्तकांचो प्रकाशन सुवाळो साखळे हांगासर जालो .डॉक्टर प्रकाश वजरीकर हाणीं बरयल्या श्री गुरुचरित्र कथा, संगीत आनंद मठी आनी लोकवेदवाणी या तीन पुस्तकांचो प्रकाशन सुवाळो खेडेकर सभाघरात साखळी हांगसर जालो. या सुवाळ्याक मुखेल सोयरे म्हणून गोंय वैद्यकीय महाविद्यालयाचे नामनेचे डॉक्टर शिरीष बोरकर, साखळी नगरपालिकेची नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू ,साहित्यिक डॉक्टर राजय पवार ,साखळे रवींद्र भवनचे उपाध्यक्ष दत्ताराम चिमुलकर आनी लेखक डा.प्रकाश वजरीकर हजर आसले.राजय पवार हाणीं पुस्तकाचेर उलोवप केलें.

Zp aap रश्मि 90

विनु गावडे आनी प्रगती पेडणेकार हांणी आम आदमी पक्षात प्रवेश केलो. आम आदमी पक्षाचे गोंय प्रदेशाध्यक्ष अमित पालेकर हांणी तांका पक्षाचो शेलो घालुन येवकार दिलो.आम आदमी पक्षान नवे कार्यकर्ते जोडल्यात.जिल्हो पंचायत वेंचणुकेच्य फांटभुयेंर आप पक्षान सगळ्यात पयली आपल्या उमेदवारांची वळेरी जाहिर केला. पक्षाचे 40 मतदारसंघान प्रचाराचे काम लागी -लागी पुराय जाला अशे अमित पालेकार हांणी म्हणला.BYTE

वेदर 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३४.२ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २३ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.

Sports 60

इंडियन वूमन्स लीग IWL फुटबॉल सरती खातीर पात्रता ही सेझा फुटबॉल अकादमीच्या बायला पंगडा खातीर व्हड संध आसा अशे मत द्रोणाचार्य पुरस्कारप्राप्त अनुभवी फुटबॉल प्रशिक्षक आर्मांद कुलासो यांनी व्यक्त केले.